# Panaji National 29th September 2025 8.40am

देशाक आत्मनिर्भर करपाचो मार्ग फकत स्वदेशी उत्पादनां विकत घेवपा वरवीं आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी परतून सांगलें. ते काल आकाशवाणी वेल्या मन कि बात कार्यावळीत उलयताले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज दिल्लींत दीन दयाल उपाध्याय मार्गाचेर नव्या प्रदेश भाजपा कार्यालयाचें उक्तावण करतले.

बिहाराक आयज सात नव्या रेल्वेची भेट मेळटली, तातूंत तीन अमृत भारत एक्सप्रेस गाड्यांचो आस्पाव आसा.

वेचणूक आयोगान बिहार विधानसभा वेंचणुको आणि वेगवेगळया राज्यांल्या आठ विधानसभा मतदारसंघांतल्या पोट वेंचणुका खातीर केंद्रीय निरीक्षकांच्या नियुक्तीची घोषणा केल्या.

आशिया कप टी-20 क्रिकेट सर्तीत भारतान पाकिस्तानाक पांच विकेटींनी हारोवन वस्तादपण जोडले. आशिया कप क्रिकेट सर्तींत जैत मेळयल्ल्या खातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारतीय पंगडाक परबीं दिल्यात.

PM – 110

देशाक आत्मनिर्भर करपाचो मार्ग फकत स्वदेशी उत्पादनां विकत घेवपा वरवीं आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी परतून सांगलें. ते काल आकाशवाणी वेल्या मन कि बात कार्यावळीत उलयताले. प्रधानमंत्र्यांनी येता ते सण स्वदेशी उत्पादनांनी मनोवपाचे आणि "व्होकल फॉर लोकल" हो आपलो मंत्र करपाचे आवाहन लोकांक केले. तांणी नागरिकांक देशात तयार जाल्लीं उत्पादनां विकतीं घेवपाचो संकल्प करपाचे आवाहन केले. सणासुदीच्या काळात नितळसाण फकत घरांपुरती मर्यादीत आसपाक जायना, तर रस्त्यांचेर, शेजरां, बाजारांत, गांवांनी पातळूंक जाय हाजेर मोदी हांणी भर दिलो.

2 ऑक्टोबराक मनोवपा आशिल्ल्या गांधी जयंतीचो उल्लेख करून प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें,महात्मा गांधी सदांच स्वदेशी आपणावपाचेर भर दिताले आनी तातूंत खादी सगळयांत म्हत्वाची आशिल्ली. फाटल्या 11 वर्सांत देशाचें खादीविशीचे आकर्शण खूब वाडलां अशें तांणी सांगलें.

PM BJP – 80

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज दिल्लींत दीन दयाल उपाध्याय मार्गाचेर नव्या प्रदेश भाजपा कार्यालयाचें उक्तावण करतले. नवरात्रा उत्सवा वेळार हे उद्घाटन जाता. दिल्ली भाजपाचे अध्यक्ष वीरेंद्र सचदेव हांणी काल राष्ट्रीय राजधानींत पत्रकार परिशदेंत ही म्हायती दिली. नवे कार्यालय फकत कार्यस्थळ न्हय, तर कार्यकर्त्यां मदीं पक्षाची संस्कृताय आनी भावना जोपासपाची म्हत्वाची सुवात अशें तांणी सांगलें.उक्तावण सुवाळ्या वेळार भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष जगत प्रकाश नड्डा, दिल्लीच्यो मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता, वरिश्ठ फुडारी, खासदार, आमदार, नगरसेवक, केंद्रीय मंत्री आनी हजारांनी पक्ष कार्यकर्तेय हाजीर आसतले.

Vaishnaw Bihar – 80

बिहाराक आयज सात नव्या रेल्वेची भेट मेळटली, तातूंत तीन अमृत भारत एक्सप्रेस गाड्यांचो आस्पाव आसा. हातूंतल्यान पाटणाक चार प्रवासी गाडयो मेळटल्यो जाका लागून लागसारच्या वाठारांनी रावपी प्रवाशांचे प्रवास सोंपें जातलें. रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव आनी उपमुख्यमंत्री सम्राट चौधरी पाटणा जंक्शना वयल्यान बिहाराक ह्यो गाडयो समर्पित करतले. रेल्वे मंत्री नवी दिल्ली सावन व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं कार्यावळींत वांटेकार जातले, जाल्यार उपमुख्यमंत्री सम्राट चौधरी पाटणा जंक्शना वयल्यान गाड्यांक पांचवो बावटो दाखयतले. दिवाळी आनी छठ पयलीं बिहारांतल्या लोकां खातीर ही एक व्हड भेट थारतली.

World food – 120

'वर्ल्ड फूड इंडिया 2025'चो काल नवी दिल्लीत एक लाख कोटी रुपयां परस चड गुंतवणूक बांधिलकी संयत समारोप जालो. चार दिसांच्या ह्या कार्यावळींत 26 नामनेचे देशांतर्गत आनी आंतरराष्ट्रीय कंपनींनी समजिकायेच्या कबलातींचेर सयों केल्यो. अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालयान एका निवेदनांत म्हणलां, ह्या करारां वरवीं चौसश्ठ हजारां वयर लोकांक थेट रोजगार मेळटलो आनी धा लाखां परस चड व्यक्तींखातीर अप्रत्यक्ष संधी निर्माण जातल्यो अशी अपेक्षा आसा. मंत्रालयाने अधोरेखित केले की या गुंतवणुकीक देश व्यापी स्वरूप आसा, तातूंत जायती राज्यां आनी दुग्धजन्य पदार्थ, मांस आणि पोल्ट्री, पॅकेजद खाणां, अल्कोहोल युक्त आणि अल्कोहोल रहित पेयां, मसालो, मसालो, मिठाई, खाद्य तेलां, फळां आनी भाजीपालो, आनी खावपाक तयार आशिल्ली उत्पादनां अशा वेग वेगळ्या विभागांचो आस्पाव जाता अशें मंत्रालयान सांगले.

राष्ट्रीय गुंतवणूक प्रोत्साहन आणि सुविधा भागीदार आशिल्ल्या इन्व्हेस्ट इंडियान या करारांचेर स्वाक्षरी करपाखातीर मंत्रालयाक सहाय्य केले.

Shah – 70

फुडल्या वर्सा 31 मार्च मेरेन डाव्या विचारसरणीचो अतिरेक देशांतल्यान पुरायपणान सोपतलो अशें गृहमंत्री अमित शाह हाणी सांगलां. ते काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या नक्सल मुक्त भारत कार्यावळीच्या समारोप सत्रात उलयताले. तांणी सांगलें, 2014 वर्सा नरेंद्र मोदी सरकार सत्तेर आयलें तेन्ना भारताच्या तीन मुखेल अंतर्गत सुरक्षा हॉटस्पॉट – जम्मू-काश्मीर, ईशान्य, आनी डाव्या विचारसरणीच्या अतिरेकी कॉरिडॉर – हांगा सरल्या हिंसक घडणुकांचो राश्ट्रीय सुरक्षाचेर गंभीर परिणाम जातालो. ह्या आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर सरकारान दीर्घकालीन रणनिती आपणायल्या अशें तांणी सांगलें.

EC – 70

वेचणूक आयोगान बिहार विधानसभा वेंचणुको आणि वेगवेगळया राज्यांल्या आठ विधानसभा मतदारसंघांतल्या पोट वेंचणुका खातीर केंद्रीय निरीक्षकांच्या नियुक्तीची घोषणा केल्या. तातूंत जनरल, पुलीस, आनी खर्च निरिक्षक आसतले. स्वतंत्र, निष्पक्ष आनी पारदर्शक वेंचणूक सुनिश्चीत करपा खातीर 320 आयएएस आनी 60 आयपीएस अधिकारी सयत वट्ट 470 अधिकारी केंद्रीय निरिक्षक म्हणून तैनात करतले. ते प्रत्येक मतदारसंघांतल्या वेंचणुकेचे प्रक्रियेचे निरीक्षण करतले, सुदारणा करपाचे क्षेत्र सोदून काडटले आनी कृती करपा सारकी शिफारशी करतले.

Mah CM – 100

विदर्भांतले चंद्रपूर आनी गडचिरोली अशे दोन जिल्हे उद्देगीक केंद्र म्हणून विकसीत करतात अशें महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी सांगलां. ह्या दोन जिल्ह्यांनी देड लाख लोकांक रोजगार मेळटलो अशें अदमास आसा. मुख्यमंत्र्यान काल चंद्रपूरांत जिल्लो खनिज फावंडेशनान तयार केल्ली कॉफी टेबल पुस्तिकाचे प्रकाशन करतना हें विधान केलें. उद्देगीक केंद्रांच्या उदरगतींत पर्यावरणाच्या हुस्क्याचोय विचार सुरू आसा अशें फडणवीस हांणी म्हळें.कुशळटाय उदरगत आनी रोजगाराचो उल्लेख करून मुख्यमंत्र्यान थळाव्या लोकांक शंबर टक्के रोजगार सुनिश्चीत करपा खातीर एक प्रणाली विकसित करतले अशें सांगलें. उद्देगीकीकरणा बरोबरच चंद्रपूर जिल्ह्यान पर्यावरण संरक्षणाचोय संदेश दिवपाक जाय.

चंद्रपूर आनी गडचिराली जिल्हे उद्देगीक आकर्षण म्हणून उदयाक येतात. हे उद्देगीक उदरगतीक लागून समृध्द अर्थवेवस्थेक चालना मेळटली.

TN – 130

करूरांत रॅलींत जाल्ल्या चिडदाचिड्डीच्या दुख्खद घडणुकेची चवकशी करपा खातीर तमिळनाडू सरकारान उच्च न्यायालयाच्यो आदल्यो न्यायाधीश अरुणा जगदीसन हांच्या फुडारपणा खाला एक वांगड्याचो चवकशी आयोग स्थापन केलां. ह्या रॅलीत 40 जाणांक मरण आयलें आनी 80 वयर लोक जखमी जाले. शेनवारा अभिनेतो ते राजकारणी जाल्लो आनी टीव्हीकेचो संस्थापक विजयाक येवकार दिवपा खातीर जाल्ल्या व्हड मेळाव्यांत ही घडणूक घडली.

न्यायमूर्ती जगदीसन हाणी काल सांजवेळार घडणुकेच्या थळार भेट दिवन चवकशी सुरू केली. संबंदीत घडामोडीत, तमिळनाडूचे अतिरिक्त पुलीस महासंचालक (कायदो आनी सुवेवस्था) डेविडसन देवसिरवथम हांणीय ह्या सुवातेक भेट दिली. उपरांत प्रसार माध्यमांकडेन उलयतना तांणी सांगले, गर्देन अभिनेतो विजयाच्या गाडये कडेन धाव घेतिल्ल्यान हि चेंगराचेंगरी जाली अशें स्पश्ट केलें आनी कार्यावळींत कळाव जालो तरी सुरक्षा मळार कसलीच चूक जावंक ना अशें सांगलें. हे घडणुके संबंदी टीव्हीकेचे सरचिटणीस एन.आनंद आनी हेर चार जाणांचेर वेगवेगळ्या कलमा खाला गुन्यांव दाखल केल्यात.

IMD – 40

भारतीय हवामान खात्यान आज सौराष्ट्र, कच्छ, गुजरात, कोंकण, गोंय, आनी मध्य महाराष्ट्रांत दाट उटनगराचो अदमास उक्तायला. तशेंच फुडल्या २-३ दिसांत अंदमान आनी निकोबार जुंवे, छत्तीसगड, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा ह्या वाठारांनी हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा.

Cricket – 80

आशिया कप टी-20 क्रिकेट सर्तीत भारतान पाकिस्तानाक पांच विकेटींनी हारोवन वस्तादपण जोडले. भारतान णववे खेप वस्तादपण जोडले. पाकिस्तानान दिल्ल्या 147 धांवड्यांच्या लक्ष्याक जाप दितना भारतान फक्त 20 धांवड्यांचेर तीन विकेटी वगडायल्यो. उपरांत तिलक वर्मा आनी संजू सॅमसन हांच्या भागीदारींन भारतीय डाव सावारलो. तिलक वर्मान नाबाद 69 धांवड्यांचो आकर्षक अर्दशेकडो केलो. शिवम दुबेन 33 आनी संजू सॅमसनान 24 धांवड्यो केल्यो.

आशिया कप क्रिकेट सर्तींत जैत मेळयल्ल्या खातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारतीय पंगडाक परबीं दिल्यात.